राष्ट्रीय खबरो

०६.०३.२०२६ @ ६.३० pm

सध्याच्या अनिश्चिततेच्या काळांत प्रासंगीक आनी तयार रावपाक आत्मनिर्भरताय हो एकूच मार्ग आसा अशें केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी म्हणला. सिंग हाणी कोलकाता हांगा संरक्षण आनी दर्याविशिचो संवाद "सागर संकल्प - भारताची दर्या गौरवाची पुनरप्राप्ती चे उक्तावण केले. सध्याच्या जागतीक परिस्थितीक लागून पुरवण साखळींची पुनर्संरचना, नवे समीकरण तयार जावप आनी दर्या वेव्हारांत सतत वाड जाल्या, जाका लागून दर एका क्षेत्रांत आत्मनिर्भर जावपाचो सरकारच्या संकल्पाची पुष्टी जाता अशें सिंग हाणी भर दिलो.

केंद्रीय औद्योगिक सुरक्षा दल (CISF) शिवाय भारताचो औद्योगिक विकास अशक्य आसा अशे केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हांणी म्हणला.कटकातल्या मुंडुली हांगा CISF च्या ५७ व्या स्थापना दिसाच्या समारंभात उलयताना, शाह हांणी म्हणाले की, देशभरात प्रमुख औद्योगिक प्रतिष्ठानां चेर सुरक्षा सुनिश्चित करपाक हो दल महत्त्वाची भूमिका निभायता. महत्त्वाच्या दर्या सुविधांचेर सुरक्षा अधिक मजबूत करपाक सुरक्षा रोख्डेच CISF कडे सोपयते असे त्यांनी सांगले. माओवादा आडच्या लढाईचो संदर्भ दित, गृहमंत्र्यांनी विश्वास व्यक्त केला की मार्च २०२६ मेरेन भारत नक्षलवादा पासून मुक्त जातलो .

इंधन आयातीचेर भारताचें अवलंबन उणें करपाक आनी देश ऊर्जा आत्मनिर्भर करपाक बायोगॅस हो सगळयांत बरो पर्याय अशें केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें. पुण्यांतल्या चव्हाण अकादमी ऑफ डेव्हलपमेंट ॲडमिनिस्ट्रेशन हांगा आयोजीत केल्या कॉम्प्रेस्ड बायोगॅस कॉन्क्लेव्ह २०२६ च्या उक्तावण सुवाळयांत ते उलयताले.

ह्या वेळार इंडियन फेडरेशन ऑफ ग्रीन एनर्जीचे अध्यक्ष प्रमोद चौधरी आनी खासदार डॉ. टी. कृष्णा प्रसाद उपस्थित अशील्ले. भारताचें वर्सुकी इंधन आयात बिल 16 लाख कोटी रुपयां वयर आसा आनी हें अवलंबन उणें करपा खातीर कॉम्प्रेस्ड बायोगॅस वा सीबीजी सारख्या स्वदेशी आणि परवडपी इंधनांची आवश्यकता आसा. शेतीचे अवशेष, विशेषतः दिल्ली आणि उत्तर भारतातले पिकांचे कंद जळील्यान जाव्पी प्रदूषणाच्या समस्येर मात करपाक मदत जावंक शकता असो विस्वास तांणी उक्तायला.

भारताच्या निर्यात कमाईंत शिक्षणाची म्हत्वाची तांक आसा आनी उच्च दर्ज्याचें भारतीय शिक्षण संवसारांत पावोवपाची म्हत्वाची तांक आसा अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत विकसीत भारता खातीर उच्च शिक्षणाची आंतर राश्ट्रीयकरणाची पुनर्कल्पना करपा विशींच्या कुलगुरूच्या परिशदेंत उलयताना गोयल हाणी कुलगुरूंक भारताच्या फुडाराचे शिल्पकार म्हणून वर्णन केलें. विद्यार्थ्यांक फुडल्या आव्हानांक तोंड दिवपाक तयार करपाची आनी आधुनीक विकसीत राश्ट्राची बुन्याद घालपाची म्हत्वाची जापसालदारकी दरेक कुलगुरूचेर आसता अशें तांणी सांगलें. भारताचे शिक्षण वेवस्थेंत सुदारणा करपा खातीर सरकारान व्हड यत्न केल्यात अशें ताणी सांगलें. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 चो उल्लेख करून तांणी नदरेक हाडलें की ह्या धोरणाक लागून शिक्षणांत आंतरराष्ट्रीय दर्ज्याची आकांक्षा दवरपाची, भारताची वाडती गरज भागोवपा खातीर शिक्षणीक संस्थांचो विस्तार करपाची आनी संवसारभरांतल्या विद्यार्थ्यांक आकर्शीत करपाची भारताची मानसिकताय उत्की जाल्या.

आज्सावन संसदेचे अधिवेशन सुरु जाले.आजच्या दिसा मांडीले काय ठळक मुद्दे म्हण्ल्यार 10 वर्सां कंत्राटी कामगारांक कायम करतले, सरकारी नोकरी आनी शिक्षणांत अनाथ भुरग्यां खातीर आरक्षण, तिसऱ्या जिल्ह्या खातीर व्हिजन कुशावती दस्तावेज तयार करपाचे आसात

काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांर जाल्ल्या आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वचषकाच्या दुसऱ्या उपांत्य फेरयेंत भारतान इंग्लंडाक 7 धांवड्यांनी हारयले आनी फायनलींत प्रवेश केलो. 254 धांवड्यांचो लक्ष्य गाठताना इंग्लंडान आपल्या निर्धारित २० षटकांत ७ बाद २४६ धांवड्यो केल्यो. हाचे आदीं भारतान फलंदाजी करतना आपल्या २० षटकांत ७ बाद २५३ धावड्याचो डोंगर उबारलो. अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांर आयतारा फायनलींत भारत आनी न्यूझीलंड आड खेळतलो. आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वचषकाच्या फायनलींत प्रवेश केल्ल्या भारतीय दादल्यांच्या क्रिकेट पंगडाक गृहमंत्री अमित शाहा हाणी परबीं दिल्यां. पंगडान दाखयल्ली जिद्द आनी खर परिश्रम खरोखरच उल्लेखनीय अशें तांणी म्हणला